**Panaji Regional 26th October 2025 7.25am**

PM - MANN KI BAAT

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 127वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी Newsonair मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

---------------------------------------

रश्मि

कायदेशीर मापनशास्त्र, जरी तंत्रीक आसलें तरी, आमच्या दिसपट्ट्या जिविताचेर परिणाम करता, दर एका वेव्हारांत नितीमत्ता, अचूकता आनी पारदर्शकता सुनिश्चीत करता. आप मजत गटावरवी वेगवेगळे वेवसाय करपी नोंदणी, डिजिटल पालन, आनी भारत सरकारा कडल्यान मुळाव्या साधनसुविधांचो आदार सारकिले उपक्रम आमच्या नागरिक केंद्रीत प्रणालींक घटमूट करतात अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.ते मापनशास्त्र नियंत्रकांच्या पयलेच फावट आयोजीत केल्ल्या राष्ट्रीय परिशदेच्या उक्तावण सुवाळ्यावेळार मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

ह्यावेळार केंद्रीय मंत्री प्रल्हद जोशी,गोंय वजन आनी माप खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, आनी केंद्र आनी राज्य सरकाराचे वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशील्ले.ह्या परीशदेत 25 राज्यातल्या नियंत्रकानी तशेंच केंद्र शासीत प्रदेशाच्या नियंत्रकांनी वाटो घेतला. गिऱ्हायकाक बरी सेवा दीतना डीजीटल माध्यमाचो उपेग करून सुटसुटीत सेवा दीवप आनी हे करतना उद्देजगांक कमीत कमी अनुपालन करपाच्या नदरेतल्यान वजन आनी माप मंत्रालय काम करता अशे केंद्रीय वजन आनी माप

खात्याचे मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी म्हळा.गोंयात वजन आनी माप खात्याची परीक्षण प्रयोगशाला स्थापन करपाचो विचार सूरू आसा अशी म्हायती तांणी दीली

ह्या परीशदेतल्यान वेगवेगळ्या राज्यातले वजन आनी माप खाते कशा पद्धतीन काम करता,तांच्यो सर्वोत्तम पद्धती खंयच्यो त्यो कळपाक आनी आपणावपाक मजत जातली अशे मंत्री दीगंबर कामत हांणी म्हणला.

----------------------------------------

रश्मि

राश्टवादी कोग्रेस पक्ष गोयांत जावपी जिल्हो पंचायत वांगडी तशेंच नगरपालीकेची वेंचणुक लढयतलो अशी म्हायती राश्टवादी पक्षाचे राश्टीय मुखेल म्हणयारे ब्रीजमोहन श्रीवास्तव हांणी दिली. ते पणजेत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले. राश्टवादी पक्ष वेंचणुक स्वबळाचेर लढयतले,सध्या तरी गोंयात हेर पक्षाकडे युती करपाचो राश्टवादी पक्षाचो विचार ना अशे तांणी म्हणला.गोयात पक्षाची बांदावळ घटमुट करपाच्या नदरेतल्यान काम सुरू जाला.

दीवाळेच्या फांटभुयेर राश्टवादी पक्षान नरकासुर तशेंच eco friendly आकाशकंदील सर्तीचे आयोजन केल्ले. ह्या सर्तींक गोंयकांरांकडल्यान उपाट प्रतीसाद मेळ्ळा अशे श्रीवास्तव हांणी म्हळा.जाल्यार नाताळाच्या परबेक राश्टवादी पक्षावतीन नखेत्र तयार करपाची सर्त आनी गोठो तयार करपाची सर्त आयोजीत करतले अशी म्हायती तांणी दील्या.

----------------------------------------

सुशांत

मडगावचो नामनेचो दिंडी उत्सव फुडल्या सप्तकात जावपाचो आसा. ते फाटभुंयेचेर काल मडगांवां दिंडी पथक कार्यशाळेचे फातोड्डेचे आदले आमदार दामोदर नायक हांचे हस्तुकी उक्तावण जाले. मडगावच्या दिंडी उत्सवाक ११६ वर्सांची व्हड परंपरा आसा. आनी दिंडी उत्सव हे मडगावकरांचे एक भूषण अशें नायक हांणी ह्यावेळार उलयतना म्हळें. फातोड्डेच्या दामबाबाचे घोडे हे संस्थेन ही कार्यशाळा मडगावच्या रवीन्द्र भवनात आयोजीत केल्या.

----------------------------------------

रश्मि

गोंयांत फाटल्या दोन दिसां सावन पावसान नेट धरला.  आयएमडीन फुडल्या चार दिसां खातीर येलो अलर्ट जारी केला.ह्या काळात वारो गडगड आनी जोगला मारून पावस पडटलो अशी शिटकावणी वेधशाळेन दील्या.

----------------------------------------

Ranji

गोंय आनी कर्नटक ह्या पंगडां मदि रणजी मॅचीच्या पयल्या दिसा, पावसान आडखळ हाडिल्ल्या खेळांत, गोंयच्या फास्ट बॉलरांनी बरी सुरवात करून दिली. पूण, अखेरैक करुण नायर आनी श्रेयस गोपळ हांणी कर्नाटकाचो डाव सांबाळ्ळो. पयल्या दिसाचो खेळ सोंपलो त्या वेळार कर्नाटकान पयल्या डावांत 5 विकेटी व्हगडावन 222 धांवड्यो केल्यात. कालच्या एलीट ब गटांतली ही मॅच शिमोगांतल्या नवुले स्टेडियमचेर सुरू जाली. गोंयान टॉस जिखून पयलीं बॉलिंग करपाचो निर्णय घेतलो. सुरवातीक हो निर्णय योग्य थारलो. गोंयचो फास्ट बॉलर अर्जुन तेंडुलकरान भेदक बॉलिंग करीत कर्नाटकाची बॅटिगेची वयली फळी गडगडावन उडयली.

----------------------------------------